**15.04.2025 @ 8.40**

आकाशवाणी पणजी

**मुखेल खबरो**

- संविधानाचे शिल्पकार बाबासाहेब उर्फ डॉ. भीमराव आंबेडकर हांच्या 134 व्या जयंती निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी हरियाणांतल्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें लोकार्पण केलें.
- राष्ट्रीय म्हामार्ग उत्कृश्टताय पुरस्कार 2023 ची सवी आवृत्ती आयज नवी दिल्लींत जातली,
- तीन नवे फौजदारी कायदे हे २१ व्या शेंकड्यांतले सगळ्यांत व्हडली सुदारणा आनी न्यायवेवस्थेक चड लोक केंद्रीत आनी वैज्ञानिक करपाचो यत्न सरकार करता अशें गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां.
- ISSF नेमबाजी विश्वचषक २०२५ चो दुसरो टप्पो आयज पेरूच्या लिमा शारांत सुरू जाता
- आयपीएल टी-20 सर्तींत चेन्नय सुपर किंग्सान येजमान लखनौ सुपर जायंटसाचेर पांच विकेटींनी जैत मेळयले

मोदी 85

संविधानाचे शिल्पकार बाबासाहेब उर्फ डॉ. भीमराव आंबेडकर हांच्या 134 व्या जयंती निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी हरियाणांतल्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें लोकार्पण केलें. यमुना नगरांतल्या दीनबंधु छोटू राम उश्णताय वीज प्रकल्पाच्या 800 मेगावॅट क्षमतेच्या 8,469 कोटी रुपया खर्चाच्या तिसऱ्या युनिटाची बुन्याद घाली. तशेच यमुना नगरांत 90 कोटी रुपयांच्या बादिल्ल्या गोबर धन प्रकल्पाचो बुन्याद घाली आनी 1,069 कोटी रुपया खर्चान बांदिल्ल्या रेवाडी बायपासाचें उक्तावण केलें.ह्या निमतान उलयताना बाबासाहेब आंबेडकराचें सपन मुखार व्हरपा खातीर आपल्या सरकाराच्या वचनबद्धतेचो मोदी हाणी अभिमान

उक्तायलो. उद्देगीक उदरगत हो समाजीक न्यायाचो मार्ग या बाबासाहेबांच्या विश्वासार ताणी भर दिलो.

गवई 60

संविधान काळाच्या कसोटीर परिक्षा घेता आणि देश घटमूट, स्थीर आनी एकवटीत करता अशें सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश बी.आर. गवई हाणी म्हणला. काल नवी दिल्लींत ते पयल्या 'डॉ. आंबेडकर आंतरराष्ट्रीय केंद्रात आयोजित आंबेडकर स्मृति व्याख्यानात उलयताले. फाटली काय वर्सां देशाचेर वेगवेगळे भायले हल्ले आनी अंतर्गत अशांततायेक तोंड दिवचें पडलें तरी देश एकवटीत आनी घटमूट उरला, बदलत्या गरजाकडे जुळवन घेवपाक संविधानांत वेळावेळार दुरुस्त्यो केल्ल्यो अशें न्यायमूर्ती गवाय हांणी सांगलें.

मोदी 70

हरियाणांत जाल्ले एके भौशीक बसकेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी रामपाल कश्यप हांची भेट घेतली. 14 वर्सां आदीं नरेंद्र मोदी हे प्रधानमंत्री जाय मेरेन अनवाणी रावपाची प्रतिज्ञा कश्यप हाणी घेतिल्ली आनी आता तांकां मेळपाची संद मेळ्ळी अशें प्रधानमंत्र्यान सोशल मिडिया पोस्टांत म्हणला. कश्यप ह्यांच्या सारक्या व्यक्तींनी दाखयल्ल्या समर्पण आनी मोगाक लागून आपूण नम्र जाला अशें मोदी हांणी म्हळे. पूण अशी प्रतिज्ञा घेवपी लोकांनी समाजसेवा आनी राष्ट्र उभारणी संबंदीत कार्या खातीर आपली भक्ती ओंपची असोय उलो तांणी मारला.

वीरेंद्र 85

भारतीय राज्याचे मुखेल शिल्पकार डॉ बी आर आंबेडकर ह्यांच्या जयंती निमतान राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू उपराष्ट्रपती जगदीप धनकर, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी, लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला, हेर फुडारी आणि विरोधी पक्ष फुडाऱ्यानी तांका आरगा ओपली. काल नवी दिल्लींत तांच्या जयंतीनिमित्त राष्ट्रीय अनुसूचित जाती

आयोगान आयोजित केल्या कार्यक्रमात आंबेडकर हाच्या जीवनाकडे संबंधित पंचतीर्थ हे तरुण पिळगे खांतिर प्रेरणास्त्रोत आसा अशे सामाजिक न्याय आणि सक्षमीकरण मंत्री डॉ. वीरेंद्र कुमार हाणी म्हणले. आंबेडकराचे आदर्श आनी जिणे विशीं जाणून घेवपा खातीर तरणाट्या पिळगेन ह्या सुवातींनी भेट दिवची अशें हाचेर ताणी भर दिलो.

क्वांटम 50

राष्ट्रीय क्वांटम मिशन खाला विज्ञान आनी तंत्रज्ञान खाते (डीएसटी)न वेंचून काडिल्ल्या स्टार्टअपां पैकी एक आशिल्या क्यूएनयू लॅबांनी संवसारांतलें पयलें आनी खाशेलें प्लॅटफॉर्म क्यू-शील्ड सुरू केलां. हाका लागून उद्देगधंद्यांक तांच्या म्हत्वाच्या मुळाव्या साधनसुविधांचो संरक्षण करपाक मेळटा. आज जागतिक क्वांटम दिसा निमित्त, क्लाउड, ऑन-प्रिमाइसेस वा हायब्रिड सयत कसल्याय वातावरणात अखंड क्रिप्टोग्राफी व्यवस्थापन लेगित सक्षम करता.

पुरस्कार 60

राष्ट्रीय म्हामार्ग उत्कृश्टताय पुरस्कार 2023 ची सवी आवृत्ती आयज नवी दिल्लींत जातली, जाचो अभिनव पद्दतींक प्रोत्साहन दिवपाचो आनी राष्ट्रीय म्हामार्ग उदरगतीच्या उत्कृश्टताये खातीर वेवसायिकांक मान्यताय दिवपाचो हेतू आसा. राष्ट्रीय म्हामार्ग मुळाव्या साधनसुविधा क्षेत्रांतल्या उत्कृश्ट कामगिरीची परब मनोवपा खातीर हे पुरस्कार एक माची म्हूण काम करता. देशभरांतल्या उच्च कार्यक्षम म्हामार्ग मालमत्तेच्या बांदकाम आनी देखरेखींत योगदान दिवपी व्यक्तींक आनी भागधारकांक हो पुरस्कार दितात.

UP 55

उत्तर प्रदेशांत लखनौच्या लोकबंधु हॉस्पिटलाच्या दुसऱ्या माळ्यार लगिल्या भिरा कुळ उजयाक लागून दुयेंती आनी हॉस्पिटलांतल्या कर्मचाऱ्यां मदीं भिरांत पातळ्ळी. घडणुकेच्या थळार जायतीं उजो पालोवपी गाडयो पावलयो आनी काल रातीं उजो आटापा आयलो. हे घडणुके उपरांत उपमुख्यमंत्री बृजेश पाठक हॉस्पिटलांत पावले

200 दुर्येंतींक सुरक्षीतपणान वाटायले आनी तांका  हेर हॉस्पिटलांत हालयले  अशी म्हायती तांणी दिली. मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हाणी हे घडणुकेची दखल घेतल्या

शाह 200

तीन नवे फौजदारी कायदे हे २१ व्या  शेंकड्यांतले सगळ्यांत व्हडली सुदारणा आनी न्यायवेवस्थेक चड लोक केंद्रीत आनी वैज्ञानिक  करपाचो यत्न सरकार करता अशें गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां. नवी दिल्लींत जाल्ले अखिल भारतीय न्यायालयीन विज्ञान परिशदेंत उलयतना शाहा हाणी सांगलें,की  न्याय मागपी  लोकांक वेळार न्याय मेळचो आनी न्याय मेळपाचें समाधान मेळचें हे खातीर सरकार वावुरता. देशांतली फौजदारी न्याय वेवस्था घटमूट करपाक फॉरेन्सिक सायन्स खूब उपेगी पडटा अशें तांणी सांगलें. हाचे वरवीं सुरक्षीत आनी सक्षम भारत निर्माण करप हो मुखेल उद्देश अशें शाहा हाणी सांगलें. वेळार न्याय दिवपाचो आनी ख्यास्तीचो दर्जो वाडोवपाचो आसल्यार ते फॉरेन्सिक सायन्सशिवाय शक्य ना अशें तांणी सांगलें. तशेंच सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश न्यायमूर्ती राजेश बिंदल, राष्ट्रीय मानवी हक्क आयोगाचे अध्यक्ष निवृत्त न्यायाधीश व्ही.रामसुब्रमण्यम, भारताचे अॅटर्नी जनरल आर. वेंकटरमणि हाणीय आपले विचार मांडले. ह्या वेळार बार काउन्सिल ऑफ इंडियाचे अध्यक्ष आनी राज्यसभा खासदार मनन कुमार मिश्र, केंद्रीय गृह सचीव गोविंद मोहन, तपास एजन्सीचे मुखेली आनी वेगवेगळ्या देशांतले प्रतिनिधी हाजीर आशिल्ले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत गृहमंत्र्यान मोदी सरकार निर्दयपणान ड्रग्स नेटवर्क मोडून काडता  अशें म्हणला. आंतरराष्ट्रीय दर्या शिमे लागसार देशांतल्या एजन्सीनी 1800 कोटी रुपया मोलाचीं 300 किलो ड्रग्स जप्त केल्यांत आनी ही कारवाय ड्रग्साचें दुष्टतेचे उच्चाटन करपा खातीर सरकारच्या दृष्टिकोनाच्या यशाचे एक उदाहरण अशें गृहमंत्र्यान म्हणला.

ह्या व्हड यशा खातीर शाहा हाणी  गुजरात पुलीस आनी भारतीय तटरक्षक दलाक परबीं दिल्यां

गॅस 100

केंद्रान कायदेशीर मापनशास्त्र (सामान्य) नेम, 2011 खाला गॅस मीटरां खातीर नेमाचो मसुदो तयार केला.ग्राहक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान एका निवेदनांत सांगलां की, ह्या नेमांक लागून घरगुती, वेपारी आनी उद्देगीक वापरा खातीर वापरिल्ल्या सगळ्या गॅस मीटरांची वेपारांत वापरचे पयलीं चांचणी, पडताळणी  आनी मुद्रांकन करप बंधनकारक थारता. तशेंच ह्या गॅस मीटरांचो वापर करतना शुद्धता सुनिश्चित करपा खातीर नेमा प्रमाण पुनर्पडताळणी करची पडटा. गेसच्या मापांत अचूकता, पारदर्शकता आनी विस्वासाची खात्री करप हो ह्या नव्या नेमाचो मुखेल हेत आसा अशें मंत्रालयान फुडें सांगलें. विचार विनिमय केले उपरांत उद्देग आनी अंमलबजावणी अधिकाऱ्यांक अनुपालनाची तयारी करपा खातीर संक्रमणकालीन कालावधीची तरतूद करून नेम निमणे केल्ल्याचें मंत्रालयान सांगलें.

ड्रग्स 45

मादक पदार्थ विरोधी मोहिमेत, व्हड कारवाय करून भारतीय तटरक्षक दलान गुजरात आतंकवाद विरोधी पंगडाच्या समन्वयान 1800 कोटी रुपया मोलाचें 300 किलोग्रामां वयर मेथांफेटामाइन जप्त केलें. विशिश्ट गुप्तचर म्हायती प्रमाण तटरक्षक दलान रातच्या वेळार केल्ल्या कारवाये वेळार आंतरराश्ट्रीय दर्या शिमेलागीं एका जहाजाक आडायलें. दुबावितांनी ड्रग्स दर्यांत उडयले आनी पळून गेले.

रोम 60

तेहरानाच्या अणुकेंद्रीय कार्यावळी विशीं अमेरिका आनी इराण हांचे मदीं चरचेची दुसरी फेरी शेनवारा रोमांत जावपाची शक्यताय आसा. वाटाघाटी करपी पक्षांनी आनी मध्यस्थ म्हणून काम करपी ओमानाच्या विनंती उपरांत रोमान ही बसका

घडोवन हाडपाक मान्यताय दिल्या अशें इटलीचे  परराश्ट्र मंत्री आंतोनियो ताजानी हांणी जाहीर केलें. ताजानीन जपानाक भेट दितना ही घोशणा केली. पूण इराण वा अमेरिके कडल्यान हे स्थळाची अधिकृत पुष्टी जावंक ना.

हवामान 85

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या 2-3 दिसांत राजस्थान आनी गुजरातांतल्या कांय वाठारांनी उश्णतायेची ल्हार येवपाचो अदमास काडला. फुडल्या तीन दिसांत पंजाब, हरियाणा आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत अशीच परिस्थिती उरपाची शक्यताय आसा असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. केरळ आनी माहे हांगा आयज उश्ण आनी दमट हवामान आसपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां. हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण फाल्यां मेरेन ओडिशा शारांत घोंगयानी पावस पडपाची शक्यताय आसा. फुडल्या 5 दिसांत ईशान्य आनी उदेंत भारतांत गडगड, वीज आनी वादळी वारें हांचे वांगडा हलको ते मध्यम प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

ISSF

ISSF नेमबाजी विश्वचषक २०२५ चो दुसरो टप्पो आयज पेरूच्या लिमा शारांत सुरू जाता. रायफल, पिस्तूल आनी शॉटगन ह्या तिनूय प्रकारात  42 वांगड्याचो भारतीय पंगड सर्त करतलो. ब्युनोस आयर्सत जावपी ISSF विश्वचषकाच्या पयल्या टप्प्यात चार भांगरा, दोन रुप्या आनी दोन कांस्य पदकां सयत आठ पदकां भारतीय नेमबाजानी जिकलयात. दोन फावटीं ऑलिंपिक पदक जिखपी मनु भाकराचेर सगळ्यांचे नदर आसा. आयज भारतीय शूटर सौरभ चौधरी, रविंदर सिंग, वरुण तोमर, अमित शर्मा आनी आकाश भारद्वाज भारतीय वेळा प्रमाण रातच्या 10:15 वरांचेर दादल्यांच्या 10 मीटर एअर पिस्तूल सर्तींत वांटो घेतले.

चेस 80

बुध्दिबळांत काल फ्रांसाच्या पॅरिसांत जाल्ल्या फ्रीस्टाइल बुध्दिबळ ग्रॅण्ड स्लॅम 2025 सर्तींत जागतिक क्रमवारीतलो अव्वल खेळगडो नॉर्वेचो मॅग्नस कार्लसन हाणें

जैत मेळयलें. ताणें अमेरिकन ग्रॅण्डमास्टर हिकारू नाकामुरा हाका 1.5-0.5 अशा अंतरान हारयलो. ह्या जैताक लागून कार्लसनाक दोन लाख अमेरीकी डॉलर्स जाल्यार नाकामुराक १ लाख ४० हजार अमेरिकन डॉलर्स मेळ्ळे. ते भायर इटालियन-अमेरिकन फाबियानो कारुआनान तिसऱ्या क्रमांकाच्या खेळात जर्मन ग्रॅण्डमास्टर व्हिन्सेंट केमर हाका हारयलो आनी एक लाख अमेरिकन डॉलर्स जिखले. भारतीय ग्रॅण्डमास्टर अर्जुन एरिगायसीन फ्रांसाचो मॅक्सिम व्हॅक्सहियर-लाग्रेव्हक 1.5-0.5 गूणांनी हारयलो आनी 50 हजार अमेरिकी डॉलर्स इनाम मेळोवन पांचवे सुवातेर पावलो.

टी-20 60

आयपीएल टी-20 सर्तींत काल रातीं एकना क्रिकेट स्टेडियमाचेर चेन्नय सुपर किंग्सान येजमान लखनौ सुपर जायंटसाचेर पांच विकेटींनी जैत मेळयले. 167 धांवड्यांचें लक्ष्य गांठताना चेन्नयची सुरवात बरी जाली आनी सुरवातीची जोडी रचिन रविंद्र आनी रशीद शेख हांणी 50 धांवड्यांची भागीदारी केली. शिवम दुबेन 37 चेंडूत 43 धांवड्यो केल्यो. फक्त 11 बॉलांनी कर्णधार महेंद्र सिंग धोनीन 26 धांवड्यो करून धमाकेदार खेळत चेन्नयन 19.3 षटकांत जैत जोडले.

आनी इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. यांचे मुखवेल्यो राष्ट्रीय खबरो तुमका एकूनक मेळतल्यो **सांजेच्या** स वरा **30** मिनिटांचेर नमस्कार